

अध्याय 4

# कागदाची कलाकुसर


ह्या अध्यायांत कागद हें एक आकर्शक कलात्मक माध्यम म्हूण सोदून काडपाची संद मेळटली. दोडप, कापप, विणप अशीं वेगवेगळीं तंत्रां तुमी सोदून काडटले. तशेच तरेन सांझी पेपर कट सारक्या भारतीय कला परंपरे विशींय शिकतले. ह्या अष्टपैलू साहित्याचो प्रयोग करपाचे जायते सर्जनशील मार्ग तुमकां मेळटले.


0680CH04

© NCERT not to be republished










## क्रिया 1: कागद दोडप.

कागदाची घडी करपाचे कलेक ओरिगामी ह्या नांवान वळखतात. जपानांत उगम जाल्लो आनी संवसारभर पातळिल्लो हो एक कलाप्रकार.

कागदाची घडी करून कांय गजाली करपाक तुमी आदींच शिकल्यांत आसतलीं.

सदाको आनी हजार कागदी बक्यांची काणी तुमकां खबर आसा? सदाको ही 11 वर्सां पिरायेची जपानी तरणाटी चली आशिल्ली, तिका 1945 वर्सा हिरोशिमाचेर जाल्ल्या अणुबाँबस्फोटाच्या वायट परिणामांतल्यान एक असाध्य दुयेंस जालें. हॉस्पिटलांत तिचेर उपचार चालू आसतना तिच्या इश्टान तिका कागदाचीं बकीं तयार करपा विशीं एक आख्यायिका सांगली. सदाकोन जगपाचे आनी आपलें जिवीत वाडोवपाचे उमेदीन 1000 कागदी बकीं करपाक सुरवात केली. 644 बकीं तयार केल्या उपरांत थोड्याच काळा उपरांत तिका मरण आयलें. पूण ती स्वता संवसारभर एक आख्यायिका जाल्या. आयजूय संवसारभरांतले लोक कागदी बकीं तयार करून जपानांतल्या चिल्ड्रन्स पीस मॉन्युमेंटांत धाडटात. कागदी बकीं हें शांततायेचें प्रतीक जालां.

कागदाची घडी करून जायत्यो वेगवेगळ्यो गजाली करपाक मेळटात. कागदाची घडी करून तरेकवार गजाली कश्यो करच्यो हाचेर आपल्या शिक्षक, पालक आनी इश्टां कडल्यान शिकचें.



*पेपर क्रेन करपाची सुचोवणी*

© NCERT not to be republished



*सांझी पेपर कट*

## क्रिया 2: पेपर कटींग

सांझी हो एक पारंपारीक कला प्रकार उत्तर प्रदेशांतल्या मथुरा आनी ताच्या भोंवतणच्या वाठारांनी चलता. हे कलेचो मुळांत रांगोळी खातीर स्टेन्सील म्हूण उपेग जातालो अशें मानतात. हालीं हे स्टेन्सील कागदा पसून तयार केल्ले आसून तरेकवार डिझायन आनी प्रतिमांनी खूब बारीकसाणेन कापतात.

तुमी स्वताचीं चित्रां आनी डिझायन येवजण करूंक शकतात, आनी सादे स्टेन्सील तयार करूंक शकतात. ह्या कागदाच्या कापांनी कंदील आनी हेर सजावट तयार करपाक लेगीत वापरूं येता.

हांगा कांय सुचोवण्यो दिल्यात. स्वता प्रयोग करात आनी तुमच्या वर्गांत एकामेकांक नवे विचार सांगात.



**कागद कापपा खातीर कात्री आनी धारदार साधनां हाताळटना सुरक्षेची सगळी खबरदारी पाळपाचें याद दवरात!**

**तुमकां खबर आसा?**


*सण-परबां वेळार आनी प्रसंगा वेळार दोळ्यांचेर लायिल्ल्या कागद, कापड वा प्लास्टिकाच्या सजावटीक बंटींग अशें म्हणटात. ते चड करून खूब रंगीत आसतात, आनी वेगवेगळे आकार आनी नमुने कापून ताची आनीकूय सजावटी करूं येतात!*


© NCERT not to be republished

## क्रिया 3: कागदाचें विणकाम

कागद हें एक जादूई साहित्य. आदल्या क्रियांनी पळयलां तशें तें सहजतायेन रुपां बदलूंक शकता. थोडे काप आनी पट मारल्यार ताचें रुपांतर जीव आनी वस्तू जावं येता.

कागद विणकाम तयार करपाची आनीक एक पद्दत वापरून पळोवया. सरभोंवतणच्या खंयच्याय कपड्याचेर बारीकसाणेन नदर मारल्यार तें घट्ट क्रिस-क्रॉस केल्ल्या धाग्यां पसून तयार केल्लें दिश्टी पडटा. ह्या क्रिस-क्रॉसाक **वार्प आनी वेफ्ट** अशेंय म्हणटात. हें कागदान करपाचो यत्न करूया. चित्रां पळोवन स्वताची शेंदरी विणपाचो यत्न करचो.







**चालू दवरप:** सैमीक तंतू, कापूस, लोकर, बांबू, ताग, ताड, विणपा खातीर कापडाचे उडयल्ले पट्टे आदी हेर माध्यमांचो सोद घेवचो..

© NCERT not to be republished